आकाशवाणी पणजी केंद्र

०६.०१.२०२५  राष्ट्रीय खबरो: सकाळी ८.४०

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज जम्मू रेल्वे विभागाचें उक्तावण करतले आनी व्हिडियो परिशदेवरवी वेगवेगळ्या रेल्वे प्रकल्पांचे बुन्यादी फातर बसयतले. ह्या वाठारांत जोडणी आनीक वाडोवपा खातीर हे एक म्हत्वाची पावल आसा. तशेंच प्रधानमंत्री तेलंगणांतल्या चार्लापल्ली नव्या टर्मिनल स्टेशनाचें उक्तावण करतले आनी ईस्ट कोस्ट रेल्वेच्या रायगडा रेल्वे विभाग इमारतीचो बुन्याद फातर बसयतले. जम्मू रेल्वे विभाग तयार केल्यार जम्मू-काश्मीर आनी भोंवतणच्या वाठारांक बरोच फायदो जातलो आनी लोकांची बऱ्याच काळासावन प्रलंबीत आशिल्ली कामा पुराय जातली . तातूंत पठानकोट - जम्मू - उधमपूर - श्रीनगर - बारामूला, भोगपूर सिरवाल - पठानकोट, बटाला - पठानकोट आनी पठानकोट ते जोगिंदर नगर विभाग आसतले. ताका लागून रोजगाराची संद निर्माण जातली, मुळाव्या साधनसुविधांचो विकास जातलो, पर्यटनाक चालना मेळटली आनी ह्या वाठाराची एकंदर समाजीक-आर्थीक उदरगत जातली.

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज हैदराबाद लागसार आशिल्ल्या चार्लापल्ली नव्या टर्मिनल स्टेशनाचें उक्तावण करतले. तेलंगणाच्या मेडचल-मलकाजगिरी जिल्ह्यांतले चार्लापल्ली रेल्वे टर्मिनल स्टेशन 400 कोटी रुपयां परस चड खर्च करून दुसरे प्रवेशाची तजवीज करपा वांगडाच नवे कोचिंग टर्मिनल म्हणून विकसीत केल्यात. पर्यावरणाक अनुकूल आशिल्ल्या ह्या टर्मिनलाक लागून प्रवाशांक बरी सुविधा मेळ्ळ्या आनी सिकंदराबाद, हैदराबाद, कचेगुडा सयत शारांतल्या सद्याच्या स्टेशनांचेर गर्दी उणी जातली अशी आस्त आसा. केंद्रीय मंत्री जी किशन रेड्डी हांच्या सयत कितलेशेच

केंद्रीय मंत्री हे कार्यावळींत वांटो घेतले. चडशा विमानतळांचेर आसतात त्यो जायत्यो सुविधा टर्मिनल स्टेशनाचेर उपलब्ध आसात आनी तेच बरोबर गिरायकांक आरामदायी प्रवासाचो अणभव मेळटलो अशी म्हायती अधिकाऱ्यांनी दिली. तातूंत णव प्लॅटफॉर्म आसतले, तातूंत चार नव्यान बांदिल्ले प्लॅटफॉर्म आसतले, जातूंत 20 लांब अंतराचेर धावपी गाडयांक सुवात आसतली आनी प्रवाशांची येरादारी वाडटली. आधुनीक सुविधांमदी दादले आनी बायलां खातीर वेगळीं वेटिंग रूम, कार्यकारी आरामघर, प्रवाशांची गरज भागोवपा खातीर कॅफेटेरिया, रेस्टॉरंट हांचो आस्पाव जाता. हे स्टेशन आउटर रिंग रोड (ओआरआर) लागसार आशिल्ल्यान उपनगरांतल्यान प्रवास करपी प्रवाशांक सोंपें जातले. प्लॅटफॉर्मांमदली हालचाल सोंपी जावची म्हूण दोन फूट ओव्हर पूल नव्यान बांदल्यात. आधुनीक बाथरूम सुविधा, कोच देखरेखीची सुविधा, पावसाचे उदक आडावपाचे खड्डे, सौर पॅनल आनी हेर सारकिले पर्यावरण-अनुकूल उपाय उपलब्ध आसात.

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल नवी दिल्लीच्या रोहिणी हांगा केंद्रीय आयुर्वेद संशोधन संस्थेखातीर नव्या इमारतीचो बुन्यादी फातर घालो. सुमार 185 कोटी रुपया खर्च करून ही नवी अत्याधुनीक इमारत बांदतले. 2.92 एकर सुविधेंत परंपरा आनी नवनिर्माण हांचो मेळ जातलो, जाका लागून खाशेले क्लिनीक, आनी कुशळटाय उदरगत करपाची नवी संद मेळटली. श्री मोदी हांणी आपल्या संबोधनांत गरीबांतल्या गरीबांक भलायकी सेवा सुलभ करपाचेर सरकारान लक्ष केंद्रीत केल्ल्याचेर भर दिलो. आयुष, आयुर्वेद ह्या सारक्या पारंपारीक भारतीय वैजकी पद्दतींकय सरकार चालना दिता अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें.

- राष्ट्रीय सुरक्षा सल्लागार अजित डोवाल आयज नवी दिल्लीत अमेरीकेचे राष्ट्रीय सुरक्षा सल्लागार जेक सुलिव्हन हांची भेट घेतले. ह्या बसकेत

महत्त्वाच्या आनी उदेन्मुख तंत्रगिज्ञान - ICET आनी हेर द्‌विपक्षीय विषयांचेर खोलायन चर्चा जातली. भारत आनी अमेरिका हांच्यामदी सेगित आनी सविस्तर चर्चा सुरुच आसा अशें पत्रकारांकडेन उलयताना विदेश मंत्रालयाचे म्हणयारे रणधीर जयवाल हांणी सांगले. तांच्या भेटीवेळार, अमेरीकेचे सुलिव्हन विदेश वेव्हार मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हांची भेट घेतले. दिल्लीतल्या भारतीय तंत्रगिन्यान संस्थेक लेगित ते भेट दितले.

- केंद्रीय स्टील मंत्री एच डी कुमारस्वामी आयज नवी दिल्लींतल्या विज्ञान भवनांत स्टील उद्‌देगा खातीर 'पीएलआय येवजण 1.1' सुरू करतले. तशेंच ह्या कार्यावळी वेळार मंत्री कुमारस्वामी ह्या येवजणेखातीर अर्ज करपाविशी म्हायती दितले. मंत्रालयाच्या पीएलआयंत सुमार 27 हजार कोटी रुपयांची गुंतवणूक जाल्या आनी 14 हजारां वयर थेट रोजगार मेळ्ळा अशें स्टील मंत्रालयान सांगला.

- उत्तर भारतांत शियेचे ल्हार चालूच आसा. भारतीय हवामान खात्यान दिल्ल्या म्हायतीप्रमाण फुडल्या 4-5 दिसांनी जम्मू-काश्मीर, लद्‌दाख, गिलगित, बाल्टीस्तान, मुझफ्फराबाद हांगा उण्यांत उणें तापमान 4-5 अंश सेल्सियस देंवपाची शक्यताय आसा. हवामान खात्यान आयज हिमाचल प्रदेशांतल्या कांय वाठारांनी गडगड आनी वीज पडपा वांगडाच घोग्यानी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. पंजाब, हरियाणा, चंडीगढ, दिल्ली, उत्तर प्रदेश, राजस्थान, अस्तंत बंगाल, सिक्किम, बिहार, झारखंड, आनी ईशान्य वाठारांनी फुडले 2 दीस रातच्या वेळार आनी फातोडेर दाट धुक्याची परिस्थिती पातळपाची शक्यताय आसा. फुडल्या 3-4 दिसांत पुराय उत्तर अस्तंत, मध्य, आनी अस्तंत भारतांतल्या उण्यांत उण्या तापमानांत व्हडलोसो बदल जावचो ना अशें हवामान खात्यान कळीत केला.

- विज्ञान आनी तंत्रज्ञान मंत्री डॉ.जितेंद्र सिंगान जाहीर केलां की काउन्सिल ऑफ सायन्टिफिक अँड इंडस्ट्रियल रिसर्च-सीएसआयआर हांणी पॅरासिटामोल हें वेदनाशामक आनी जोर उणो करपी वखद तयार करपा खातीर देशी तंत्रज्ञान तयार केलां. ह्या नवनिर्माणाचो हेतू भारताक पॅरासिटामोल तयार करपाच्या मळार आत्मनिर्भर करपाचो आनी हें वखद तयार करपा खातीर आयात केल्ल्या घटकांचेर आदारून रावप उणें करपाचो आसा अशे काल नवी दिल्लींत शास्त्रीय आनी उद्देगीक संशोधन खात्याच्या स्थापणूक दिसा संबोधीत करतना मंत्री सिंग हांणी सांगलें. तशेंच भारताच्या पयल्या देशी विकसीत केल्ल्या अँटीबायोटिक-नॅफिथ्रोमायसीन सारकिल्या देशी वखदां वापरून ॲटिपिकल आनी सादारण वखदां प्रतिरोधक बॅक्टेरिया ह्या दोनूय प्रकारांचेर उपचार जाल्यात अशेंय डॉ सिंग हाणी सांगले.

- भारत सरकाराच्या ग्रामीण उदरगत मंत्रालयाच्या ग्रामीण उदरगत खात्याच्या ग्रामीण घरां विभागान प्रधानमंत्री आवास येवजण-ग्रामीन (पीएमएय-जी) खाला किश्तवाड जिल्ह्याच्या वारवानां देगणातल्या मुलवारवान गांवांत, उज्यान लुकसाण जाल्ल्या घरां खातीर मजत दिवपा खातीर खाशेल्या प्रकल्पाक मान्यताय दिल्या. फाटल्या वर्सा 15 ऑक्टोबराक जाल्ल्या विध्वंसक उज्याक लागून जायतीं घरां नश्ट जावन जायतीं कुटुंबां बेघर जाली अशें आकाशवाणी जम्मू खबराकारान म्हळां. 16 ऑक्टोबराक पदभार घेवपी मुख्यमंत्री उमर अब्दुल्लान दुसऱ्याच दिसा बेगोबेग बाधित वाठाराक भेट दिवन बाधित लोकांक पुनर्वसनाची खात्री दिली.

- इंडियन सुपर लीग फुटबॉल सर्तीत काल केरळ ब्लास्टर्स पंगडान पंजाब एफसी पंगडाक १-० अशें हारयले. नवी दिल्लीच्या जवाहरलाल नेहरू

स्टेडियमाचेर जाल्ल्या खेळात पयल्या वीस मिनटांत पंजाब एफसी पंगडाचे वर्चस्व दाखयाले, पूण तांका संधीचो फायदो घेवंक शक्य जावंक ना. ह्या जैतासयत केरळ ब्लास्टर्स 9व्या सुवातेर पावला.

- हॉकी इंडिया लीग सर्तीत काल राती तामिळनाडू ड्रॅगन्स पंगडान यूपी रुद्रज पंगडाक 2 आड 0 अशें हारयले.   ओडिशातल्या राउरकेलातल्या बिरसा मुंडा स्टेडियमाचेर जाल्ल्या ह्या खेळात तामिळनाडूच्या आभारन सुदेव  आनी थॉमस सोर्सबी हांणी गोल केले.
  तेआदी राउरकेलात जाल्ल्या खेळात सूरमा हॉकी क्लबान आदले वस्ताद वेदांत कलिंगा लान्सर्स पंगडाक ४ आड ३ अशें हारयले.